# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक चवथीची परबीं

ता. 18 सप्टेंबर 2023

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक चवथीची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, “गणेश चतुर्थीच्या शुभ आनी उमेदीच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी मनाकाळजासावन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना दिता.

गणेश चतुर्थी हो एक चड म्हत्वाचो उत्सव आसून तो आपल्या देशांत सगळीं कडेन व्हडा उमेदीन आनी दबाजान मनयतात. देव-देवतांच्या मंदीरात श्रीगणेशाक खास स्थान आसा. श्रीगणेश हे “विघ्नहर्ता” आनी “मंगलमुर्ती” म्हळ्यार सगळ्यों अडचणी पयस करून मंगलमय वातावरण निर्माण करपी दैवत आसा. कसल्याय शुभ कार्याची सुरवात करतना श्रीगणेशाची पयली पुजा करतात.

गणेश चतुर्थी हो गोंयचो व्हड सण आनी तो दबाजान मनयतात. ह्या उत्सवाच्या निमतान कुटुंबातले सगळें वांगडी एकटाय येतात. चवथीच्या सणाक वेगवेगळ्या तरेचे गोडधोड जीन्नस तयार करतात. फळ-फळावळ आनी हेर रानांतल्या वनस्पतींची “माटोळी” ही गणेश चतुर्थीचे खास आकर्शण आसता. ह्या एकमेव अशा सुवाळ्याचे भागीदार जावपाची प्रत्येका खातीर बरी संद आसा, जो सुवाळो स्नेहभाव, समाजीक सलोखो आनी परस्पर समजीकाय मजबूत करता. हो सण गोंयची एकजूट आनी धार्मिक सलोखो मजबूत करता. ह्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांचेर श्रीगणेशाचो कृपाआशिर्वाद आसू आनी प्रत्येकाच्या जीणेत यश, खुशालकाय आनी भरभराटी येव, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/731

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.